**08.02.2025 @ 7.20 pm**

**आकाशवाणी पणजीच्या**

**मुखेल खबरो**

**दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेत आपाक हरोवन भाजप जैतिवंत जाल्याखातीर मुख्यमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी खोस उक्तायल्या.**

**गोंय राज्याची अर्थिक स्थिती सध्या घटमुट आसा. निती आयोगाच्या निकशाप्रमाण गोंय हे अर्थिक बाबतीन सुस्थितीत आशिल्ले तीसरे राज्य अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.**

नॅशनल कमिशन फॉर सॅनिटेशन वर्कर्स म्हळ्यार राष्ट्रीय सफाई कर्मचारी आयोग कार्यकाळ तीन वर्सां वाडोवपाचो केंद्र सरकारच्या निर्णयाचे गोंयचो मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हाणी येवकार दिला.

**गोंय पुलिशेन सध्या आपल्या पुलिस विभागाक घटमुट दवरपाच्या हेतान वेगवेगळे उपक्रम सुरु केल्यात.**

**आता पुराय खबरो**

Rashmi 160

दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेत आपाक हरोवन भाजप जैतिवंत जाल्याखातीर मुख्यमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी खोस उक्तायल्या. दिल्लीत भाजपाचे सरकार भैमतान वेंचुन आयला. हाचेवेल्यान दिलल्लीकारांचो भाजपाचेर, प्रदानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचेर आशिललो विस्वास दिसुन येता, भाजपाचे सरकार एक बरे पसासन तशेच साधन सुविदा आनी मनशाच्या सर्वांगिण उदरगतीक महत्व दिता अशे

मुखेलमंतत्र्यान म्हणला. 2047 मेरेन दिल्लीत तशेंच गोंयांत भाजपाचेच सरकार आसतले अशे विधान ह्यावेळार मुकेलमंत्र्यान केला.मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी तशेंच भाजपाचे राश्ट्रीय अध्यक्ष जे.पी नड्डा हांका जैताची परबी भेटयल्या. दिवचले शिवाजी पुतळ्यासामकार आयज भाजपाच्या कार्यकर्त्यांनी आयज जल्लोश करीत दिल्ली वेंचणुक जिखिल्लयाची खोस व्यक्त केली. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावतं, भाजप प्रदेश अध्यक्ष दामोदर नायक, तशेंच पक्षाचे हेर मानेस्त हाजीर आशिलले. भाजपाचे सरकार निस्चितच दिल्लीची सर्वांगिण उदरगत करतले शे प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी म्हणला. भाजपाच्या राज्यभरातल्या कार्यालयात आयज दिल्ली विधानसभा वेचणुक कार्यकत्यांनी लायव्ह पळोवन रिजल्टाउपरांत जल्लोश केलो. एका मेकाक मिठाई भरोवन तांणी ह्यावेळार भारत माता की जय, वंदे मातरम म्हणीत खोस व्यक्त केला.

Rashmi 140

गोंय राज्याची अर्थिक स्थिती सध्या घटमुट आसा. निती आयोगाच्या निकशाप्रमाण गोंय हे अर्थिक बाबतीन सुस्थितीत आशिल्ले तीसरे राज्य अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. प्रसासन चलोवपाक लागपी पैशाखातीर आपणे गरजेपरस चड रिण काडुंक ना, जी रीणा आदल्या सरकारान करु दवरील्ली , ती रिणा हे सरकार फारीक करता, जी रिणा आता काडल्यात ताचे हप्ते लेगीत सरकार वेवस्थित वेळात भरता, हे शिवाय गोंय राज्याकडे योग्य असो सिंकींग फंण्ड (sinking fund) आसा अशें मुखेलमंत्र्यान म्हणला. दोन दिसाचे शियांळी अधिवेशन सोपल्याउपरांत उलयतना मुखेलमंत्र्यान ही प्रतिक्रिया दिल्या,

राश्ट्रीय शिक्षण धोरण चालीक लावप, मुंडकारांचे दावे निकालात काडप, उद्देगिक मळाक उब्रा दिवप, गोंयात घडपी गुन्ह्यावाचेंर कारवाय करप, नोकरेचो हावेस दाखोवन लोकांची लुट केल्याआड कडक कारवाय करपाचे काम ह्या सराकरान केला. हे शिवाय उदका पुरवणीचो फुडल्या 25 वर्साचो विचार करुन साधन सुविदा उबापाचेय काम सुरु जाला. ताका लागुन एक बरे प्रशासन आम्ही गोंयच्या जनतेक दिला अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

Rashmi 120

केंद्र सराकारान सादर केल्या अर्थसंकल्पात तरणाट्याचो बेरोजगारीचो प्रस्न सुटावो करपाच्य नदरेतल्यान कांयच पावला उबारील्ली ना असो आरोप करीत,गोंय प्रदेश युवा कोग्रेसीच्या वांगड्यानी आयज पणजे आझाद मैदानाचेंर धरणे आंदोलनाचे आयोजन केल्ले.

पालक आपल्या भुरग्यांक रिण काडुन शिकयतात, भुरगी शिकतात, मात पात्र आसुन लेगीत जोब स्कॅमाक लागुंन ह्या तरणाट्यांक रोजगार मेळना, तशेंच खासगी मळार अणभवाशिवाय नोकरी मळप लेगीत कुस्तार जाला. गोंयांत दरवर्सा 8 ते 18 हजार भुरगी पदवीचे शिक्षण पुराय करताता, मात नोकरी नाशिल्यान गंयचे तरणाटे लगीत निरशेल्यात. ह्या निरशेवणेक लागुन ते व्यसनाधीन जांवक लागल्यात.

,उद्देग करपाखातीर ,शेती करपाक भाजपाच्या सराकरान पोशक असो प्रत्यक्ष तेको ना असो आरोप ह्यावेळार युवा कॉंग्रेसीच्या फुडाऱ्यांनी केला.

सराकरान बेरोजगारांचो प्रस्न जाता तितल्या बेगीन सुटावो करचो अशी मागणी ह्यावेळार युवा कॉंग्रेसीच्या वांगड्यांनी धरणे आंदोलन करुन केला.

PTI 110

नॅशनल कमिशन फॉर सॅनिटेशन वर्कर्स म्हळ्यार राष्ट्रीय सफाई कर्मचारी आयोग कार्यकाळ तीन वर्सां वाडोवपाचो केंद्र सरकारच्या निर्णयाचे गोंयचो मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हाणी येवकार दिला. एक्साचेर केल्ल्या पोस्टांत सावंत हांणी सांगलें, की आयोगाच्या विस्ताराचो वट्ट अर्थीक भार सुमार 50.91 कोटी रुपया आसतलो. ह्या निर्णयाक लागून नितळसाण कामगारांची कामाची परिस्थिती सुदारतली आनी तांचें जिवीत सन्मानान उंचायेर वतलें आनी समाजीक-आर्थीक उदरगत जातली अशें तांणी सांगलें. केंद्रीय मंत्रीमंडळान शुक्रारा राष्ट्रीय नितळसाण कामगार आयोगाचो कार्यकाळ मार्च 2028 मेरेन तीन वर्सां खातीर वाडोवपाक मान्यताय दिल्या. आयोगाची सध्याची मुजत 31 मार्चाक सोंपपाची आशिल्ली आनी ती 31 मार्च 2028 मेरेन वाडयल्या. नितळसाण कामगारांक स्थिती, सुविधा आनी संद हांचे मदली विसंगती ना करपा खातीर केंद्र सरकाराक विशिश्ट कृती कार्यावळीची शिफारस करप हें आयोगाचें काम आसा.

Sushant 180

विद्यारर्थ्यानी वेगवेगळ्या क्षेत्रात अापलो फुडार घडोवपाखातीर वावर करतानाच भारत सरकारच्या सेनादलात वचपाचे उद्दिष्ट्य नदरे सामकार दवरचे असो उलो निवृत्त एअर मार्शल संदेश वागळे हांणी दिलाे. मडगावां घडोवन हाडिल्ल्या सारस्वत अन्न आनी सांस्कृतिक महोत्सवात आयज हूशार विद्यार्थ्यांचो भौमान केलो. ह्या भौमान सुवाळ्यात ते उलयताले.

सेनादलातय विद्यार्थ्यांखातीर आकर्शक अश्यो संदी आसात आनी हे काम करताना देश सेवा केल्ल्याचेय समादान युवकांक मेळपाक शकता अशे तांणी सांगलें. ह्या सुवाळ्यात गोवा सारस्वत समाजाचे अध्यक्ष डाॅ. देश प्रभुदेसाय आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

गोवा सारस्वत समाज हांणी घडोवन हाडिल्लो तीन दिसांचो हो सारस्वत अन्न आनी सांस्कृतिक महोत्सव कालसावन मडगावा सुरु जाला. मडगावचे नगरसेवक सगुण नायक हांणी ह्या महोत्सवाचे काल उक्तावण केले. मडगावच्या एसजीपीडीए मैदानाचेर घडोवन हाडिल्ल्या ह्या महाेत्सवाक गोंय सरकारच्या कला आनी संस्कृती खात्याचो पालव लाबला. फाल्या ह्या महोत्सवाचो निमणो दीस आसा. अायज ह्या महोत्सवात तोंड रंगोवया, क्राेशे विणकाम, हाताची एम्ब्रॉयडरी आनी गीतगायनांची सर्त जाली. सध्या गीतगायनाची कार्यावळ चालू आसा.

फाल्या आयतारा सारस्वत कुमारी, सारस्वत कुमार आनी मिस्टर ॲण्ड मिसेस सारस्वत ह्याे सर्ती जावन सारस्वत फॅशन शो जावन हो महोत्सव सोपतलो. ह्या महोत्सवाच्या सुवातीचेर वेगवेगळ्या सारस्वत खाणांची स्टॉला उबारिल्ली आसून लोक ह्या खाणांचो आस्वाद घेतात.

Rashmi 120

गोंय पुलिशेन सध्या आपल्या पुलिस विभागाक घटमुट दवरपाच्या हेतान वेगवेगळे उपक्रम सुरु केल्यात. असोच एक उपक्रम म्हण आयज पणजी पुलिस स्टेशनान पणजी मिरामार दर्यादेगेर पाच किलो मिटर दर्योदेग वाठार धावपाच्या फीटनेस रनाचे आयोजन केल्ले. धावपाच्या ह्या कार्यावळीत गोंय पुलिशेच्या 800 पुलिस कर्मचाऱ्यांनी वाटो घेतिल्लो. सकाळी सातांक मिरामार दर्यादेगेर पोरण्या गोंयचे आमदार राजेश फळदेसाय हांणी बावटो दाखोवन ह्या सर्तीचे उक्तावण केल्ले अशी म्हायती ह्यावेलार पणजी पुलिसे स्टेशनाचे पुलिस निरीक्षक सुदेश नायक हांणी दिल्या. गोंय पुलिश शारीरीक आनी मानसिक रित्या घटमुट आसत जाल्यारुच ते बरी सेवा दिंवक शकता, ताका लागुन फीटनस रन ह्या उपक्रमाचे आयोजन केला अशी म्हायती पुलिस म्हासंचालक आलोक कुमार हांणी दिल्या.

तशेंच फुडारात कळंगुट, बागा, कोल्वा , ह्या वाठारात लेगीत अशा फीटनस रनांचे आयोजन करतले अशे तांणी सांगले.

Rajesh 150

राधाकृष्ण संगीत अकादमी हरवळे सांखळीच्या सर्गेस्त धोंडू भिकू नायक यादस्तिक संगीत समारोह फाल्यां 9 फेब्रुवारी 2024 दिसा शिवस्मृती खेडेकर सभागृहात जातलो कला आणि संस्कृती खात्याचे . वतीन सकाळी साडेनऊ ते रात्री साडेनऊ या वेळेत हो संगीत समारोह

समारोहाच्या उक्तावाण सुवाळ्याक पद्मिनी फाउंडेशनची .जातलो
या संगीत समारोहात गुरुदास गावकर.अध्यक्ष सुलक्षणा प्रमोद,पंडित चंद्रकांत नाईक, कुमारी अनुजा नाईक, कुमारी अनुष्का नाईक, दिगंबर गावस ,पंडित रामेश्वर डांगे, स्वानंदी नाईक हाचें गायन जातलें. सांजवेळा जावपी सत्कार सुवाळ्याक राज्याचे मुख्यमंत्री डॉ . त्यांच्या वांगडा .प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे या नात्यात हजर असतले मये मतदार संघाचे आमदार श्री प्रेमेंद्र शेट, सुप्रसिद्ध चित्रकार शिवानंद खेडेकर ,नावेलीचे पंच कालिदास गावस ,संगीत अकादमीचे अध्यक्ष संतोष मळीक हजर असतले

Rajesh 55

साखळी रवींद्र भवनात चित्रपट अभिनेत्री हंसा वाडकर यांच्या आत्मचरित्राचे आधारित सांगते ऐका हो एकपात्री अभिनयाचा अविष्कार फाल्या 9 फेब्रुवारी 2024 दिशा सांज वेळा सातवरांचे जातलो हे कार्यावळीत अभिनेत्री मानसी कुलकर्णी ह्यांच्या अभिनयातल्या हंसा वाडकर यांचे जीवन प्रवास दिसतं हे कार्यवाहीक रसिकांनी वडा संकेत हजर राहायचे असे आवाहन साखळी रवींद्र भवनाचे उपाध्यक्ष दत्ताराम चिमूरकर आणि केला

Rajesh 75

साखळी सरकारी महाविद्यालयाच्या भूगोल विभागाचे वतीन गुगल अर्थ या विषयाचेर एक दिसाची कार्यशाळा जाली. हे कार्यशाळेत डॉक्टर आरती पणसेकर आनी दीपक कुंभार हाणीं विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केलें .कार्य कार्यशाळेच्या समारोप सुवाळ्याक महाविद्यालयाचे प्राचार्य

डॉक्टर नामदेव गावस हजर आसले .अशा कार्यशाळांचो फायदो घेवन विद्‍यार्थ्यांनी भूगोल तशेंच ते संबंधी ज्ञान प्राप्त करपाची गरज आसा अशें प्राचार्य नामदेव गावस हाणीं सांगलें.

Rajesh 60

साखळी मतदारसंघातल्या आमोणें गावातल्या उर्बा जेष्ठ नागरिक मंच आनी उम्मीद केंद्र मुळगाव यांच्या जोडपालवान दिवचल तालुका मर्यादित ज्येष्ठ नागरिकांखातीर खेळा मेळावो जालो.

**आनी आता खबरो सोपोवचे पयली काय मुखेल खबरो**

**आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें फालया सकाळी सात वरा पंचवीस मिनटांचेर. नमस्कार**